गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 11 वर्स 2025**

**14/11/2025 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.11. 2025 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांची अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.12. 2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.

- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.**

## I. <u>भौशीक भलायकी खातें</u>

<u>गोंय वैजकी महाविद्यालय</u>

1. वृद्धारोगविज्ञानांत (जॅरिएॅट्रिक्स) सहयोगी प्राध्यापक, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं (Associate Professor in Geriatrics, by Transfer on Deputation) .........1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

**आवश्यक:** केंद्र/राज्य सरकारां/केंद्र शासीत प्रदेश प्रशासना अंतर्गत समान पदां सांबाळपी अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो काळ सादारणपणान तीन वर्सां परस चड आसचो ना).

2. वृद्धारोगविज्ञानांत (जॅरिएॅट्रिक्स) सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Geriatrics) …..1 पद (अनारक्षीत) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**वेतन श्रेणी: मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (केंद्रीय अधिनेम 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो 102) च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (तेन्नाचे भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थेंतल्यान संबंदीत खाशेले विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम पात्रताय आसूंक जाय. (iii) गरजेची पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय /अध्यापन संस्थेंत व्याख्यातो वा तत्सम अध्यापन पदाचेर संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.

## <u>II. विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खातें</u>

**विज्ञानीक अधिकारी (Scientific Officer) ……..1 पद (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600 – 39,100 + 5,400 (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (1) (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ / संस्थेंतल्यान रसायनशास्त्र / भौतीकशास्त्र / जीवशास्त्र विज्ञानांत पदवी वा तत्सम आसूंक जाय. (ii) संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

वा

(2) (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ / संस्थेंतल्यान रसायनशास्त्र/भौतीकशास्त्र/जीवशास्त्र विज्ञानांत मास्टर्स पदवी वा तत्सम आसूंक जाय. (ii) संबंदीत क्षेत्रांत तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** (i) कोयर वेवस्थापनांत अणभव (ii) भुगोलीक माहिती प्रणाली (GIS) (जॉग्राफिकल इन्फॉरमेशन सिस्टम) / रिमोट सॅनसिंगाचें गिन्यान आसूंक जाय. (iii) मराठीचें गिन्यान.

## III. नोंदणीकरण खातें

**नागरी निबंधक आनी उप- निबंधक (Civil Registrar Cum Sub Registrar) ……… 6 पदां ( 3 हेर मागास वर्गींया खातीर – 1 अनुसुचीत जाती खातीर, 2 अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें. **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक:** (1) भारतांतल्या मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतली कायद्याची पदवी वा हेर खंयचीय तत्सम पात्रताय आसूंक जाय. (2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.